# अनिवासी भारतीयांक वळखपत्र म्हुण आधार कार्ड लागू करपा संदर्भात

ता. 30 नाव्हेंबर 2017
9 मार्गशीष 1939

अनिवासी भारतीय, मूळ भारतीय आनी भारतीय विदेशी नागरीकांक वेगवेगळ्या सेवांचो लाव घेवपाक संबंदीत अधिकारीणींक मागणे प्रमाण आधार कार्ड नंबर दिवप शक्य जायना. आधार कायदो 2016 प्रमाण अशें नागरीक आधार कार्डाखातीर पात्र नात, ही परिस्थीती लक्षात घेनासतना कांय संबंदीत मंत्रालयां, विभाग आनी यंत्रणां सेवांचो लाव घेवपाखातीर आधार सूपूर्द करपाचो आग्रो धरतात, अशां कागाळीं बाबतींत भारत सरकाराच्या विशिश्ट वळख प्राधिकरणान नदरेक हांडून दिला की, प्रत्येक रहिवासी आपल्या राबीत्याची म्हायती आनी बायोमॅट्रीक म्हायती दिवन आधार नंबर मेळोवपाक अर्ज करपाक पात्र आसा, पूण रहिवासी म्हळ्यार जी व्यक्ती आधाराखातीर अर्ज करचे तारखेमेरेन आदीच्या बारा म्हयन्यात 182 दीस वा चड काळ भारतात राबीतो केला अशा व्यक्तीन रोखड्या रोखडो अर्ज करपाक जाता.

आधार कायदो 2016 प्रमाण चडशें एनआरआय, पीआयओ, ओसीआय आधाराखातीर अर्ज करपाक शकना. पूण अंमलबजावणी यंत्रणांनी अशां अर्जदारांच्या खऱ्या परिस्थीतीची खात्री करून घेवपाखातीर योग्य सुविधा तंत्राचो वापर करचो, अशें प्राधिकरणान कळीत केला.